# राज्यपाला हस्तुकीं चार पुस्तकांचे विमोचन

ता. 14 नोव्हेंबर 2024

शिक्षणाचे माध्यम आवय भाशेंतल्यान आसल्यार चड बरें जातले. पुस्तकांतलो विशय आवय भाशेंतल्यान आसल्यार भाशा समृध्द जावपा वांगडाच सांस्कृतिक वारसो सांबाळप शक्य जातले, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें.

राज्यपाल आयज राजभवनार केंद्रीय साहित्य अकादेमी युवा पुरस्कार जैतिवंत कोंकणी कवियत्री श्रध्दा गरड हांच्या चार पुस्तकांचे विमोचन केले उपरांत उलयताले.

ज्ञानपिठ पुरस्कार जैतिवंत श्री. दामोदर मावजो, श्री. पाचू मेनन, श्री. गजानन वेळीप आनी श्रध्दा गरड हांकां पुस्तकांची पयली प्रत भेटयली.

राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार राज्यपालान वैजकीय उपचार घेवपी श्रध्दा गरड हांका 50 हजार रूपयांची अर्थिक मजत भेटयली.

दिनेश मणेरकर हांणी ह्या वेळार उपस्थित मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/643

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.